**स्वयंपूर्ण मित्रांची कणेरी मठाक भेट**

ता. 28 फेब्रुवारी 2023

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कोल्हापूरातल्या कणेरी हांगाच्या श्री क्षेत्र सिद्धगिरी महासंस्थानात आयोजीत पंचमहाभूत लोकोत्सवाच्या भेटी मजगती गोंयांतले अधिकारी पंचमहाभूत लोकोत्सवाच्या कार्यक्रमांचो अभ्यास करपा खातीर उत्सवाक भेट दितले अशी घोशणा केल्ली. स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमांनी वाड करपाच्या उद्देशान ह्या भेटीचे नियोजन केल्ले.

ह्या कार्यक्रमा प्रमाण 26 फेब्रुवारी 2023 दिसा तालुका नोडल अधिकारी, स्वयंपूर्ण मित्र आनी पंचायत सचिवांसयत 500 वरिश्ट सरकारी अधिकाऱ्यांनी कणेरी, कोल्हापूर हांगाच्या श्री क्षेत्र सिद्धगिरी महासंस्थानात आयोजीत पंचमहाभूत लोकोत्सवाक भेट दिवन शिक्षण, कृशी, ग्रामउदरगत, पर्यटन, संस्कृती, हेर उपक्रमांविशीं नवीन संकल्पना समजून घेतल्यो, जेणे करून स्वयंपूर्ण मित्र गोंयांत अशां संकल्पनांची अंमलबजावणी करपाक शकतले.

त्याच दिसा गोंय विधानसभेचे सभापती श्री रमेश तवडकर हांणीय कणेरी हांगाच्या श्री क्षेत्र सिद्धगिरी महासंस्थानाक भेट दिली. थंय तांणी स्वयंपूर्ण मित्रां कडेन संवाद साधलो.

स्वयंपूर्ण गोंय 2.0 उपक्रमाखाला थारायिल्ले उद्दीश्ट साध्य करपाखातीर नोडल अधिकारी आनी स्वयंपूर्ण मित्र हांचे प्रयत्न आसात.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/195

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.